आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

**19.04.2025 @ 7.20 pm**

इस्टरांचे पूर्व संध्येर राज्यपाल पी एस श्रीधरन  पिलय मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत आनी आर्चबीशप फीलीप नेरी फेर्राव हांणी समेस्त गोयकारांक पास्काच्या परबेच्या फांटभुंयेर परबी दील्या

मनशाची भलायकी हीच ताची खरी संपत्ती अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

मडगावच्या गोविंद रामनाथ कारे कायदा म्हाविद्यालयाक राज्यांतलें सगळ्यांत बरें कायदो म्हाविद्यालय म्हणून वेंचून काडलां.

------------

इस्टरांचे पूर्व संध्येर राज्यपाल पी एस श्रीधरन  पिलय हाणी समेसताक इस्टरांची परबी दिल्या. आपल्या संदेशांत ताणी म्हणला की "इस्टर जेजू क्रिस्ताच्या गौरवशाली पुनर्जल्माचो उगडास करता. "जेजू क्रिस्तान आमकां देवाचो मोग करुंक आनी आमच्या सांगाती मनशांचो मोग करुंक शिकयलें. हो उत्सव आमकां भावपण, मोग, करुणा आनी भोगसणें हांचो मोलादीक संदेश दिता. संवसाराक रावपाक एक बरी सुवात करुंक आमी प्रभू जेजू क्रिस्ताच्या आदर्शांक पाळो दिवया अशे राज्यपालानी म्हळा

इस्टरांचे पूर्व संध्येर मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक, खास करून क्रिस्तांव भाव-भयणींक इस्टराचयो उरबे भरीत परबीं दिल्या. मुखेलमंत्रयान संदेशांत म्हणला की जेजू क्रिस्ताच्या बलिदाना  उपरांत तीन दिसांनी ताच्या गौरवशाली पुनर प्रकटी करणाची याद "ईस्टर करता. जेजू क्रिस्त, शांतीच्या  दूताक  खुर्सार मारल्या उपरांत तिसऱ्या दिसा जिवीत जालो. इस्टर हो आनंद वांटपाचो वेळ. अशे ताणी म्हळा. "जेजू क्रिस्ताचीं उदात्त मुल्यां आमकां चड अर्थपूर्ण जिवीत जगपाक बळ दितात. मोग, करुणा, आशा, विस्वास, जापसालदारकी आनी क्षमा हीं सासणाचीं

मुल्यांचो ताणी प्रचार केलो. अशें मुख्यमंत्र्यान मुखार म्हळां. ह्या दिसा आमी दुसऱ्यांच्या कल्याणा खातीर यत्न करपाचें उतर दिवया आनी लोकांक सशक्त करपाची प्रेरणा दिवया. ह्या सोबीत गोंयांत रावपी आमी सगळ्यांनी एकठांय येवन लोकांचें हित सगळ्यांत म्हत्वाचें असो समाज तयार करूंया अशें मुख्यमंत्र्यान आपल्या संदेशात म्हळां..

आर्चबीशप फीलीप नेरी फेर्राव हांणी समेस्त गोयकारांक पास्काच्या परबेच्या फांटभुंयेर परबी दील्या. जेजुचो पुर्नजल्म म्हणल्यार मरणाचेर जैत जांवन आसा अशे तांणी म्हणला.समाजान एकचार सामाळात,गरजेवंताक आधार दीयात,तशेंच सृश्टीचो सामाळ करात असो संदेश ह्यावेळार आर्चबीशपान दीला.गोंयात एक बरो समाज घडोवपाक सगल्यानी एकचारान शांतीकायेन रावचे अशे तांणी म्हणला

गोंयच्या दर्यादेगेचेर दलालपणा करपी एक हजार मनशांचेर वर्सभरात कारवाय केल्या अशी म्हायती उत्तर गोंय पुलिस अधिक्षक अक्षत कैाशल हांणी दिल्या. जाल्यार 193 जणाचेंर दार्यादेगेर सोरो पिवन धुमशेणा घालपाखातीर, 545 जणाचेंर दर्यादेग वाठारात कोयर उडोवपाखातीर, 265 जाणाचेंर कोट्पा कायद्यावरवी तशेंच 14 जणांचेर दर्यादेगेर गाडी चलोवपाखातीर पुलिशेन कारवाय केल्या अशी म्हायती दिल्या. दर्यादेग वाठारात दलालांचेर कारवाय करपाखातीर पुलिशेकडे संपर्क करपाक फोन नंबराचे तक्ते लायल्यात.तशेंच दर 15 दिसांनी थळाव्या शॅक वेवसायिकाकडे गोंय पुलिस बसका घेवन हे विंशी नियाळ घेता अशी म्हायती अक्षत कैाशल हांणी दिल्या.

मनशाची भलायकी हीच ताची खरी संपत्ती अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. व्यायाम, योग, तशेचं पुश्टीक आहार आनी समतोल दिनचर्या हाका महत्व दिवन प्रत्येकान आपली भलायकी सामाळपाक जाय अशे मुखेलमंत्र्यान म्हटला. बायलांक सर्व्हायकल कॅन्सर जावपाची चड शक्यताय आसता. सद्या एचपीव्हीची प्रतिबंधात्मक लस उपलब्ध आसा आनी ताची येसस्वी चांचणी जाल्या. ते खातीर हे लसीं विशीं कसलोच गैरसमज करचो न्हय अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. ते रोटरी क्लब ओफ पणजी आनी वन वल्ड गोवा हांच्या

जोडपालवान सर्वाकल केन्सरा आड HPV वाशिन दिवपाची कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. फुडाराक केंद्र सरकाराच्या भलायकी उपक्रमांत तें वाशीन आस्पावतलें. केंद्रान त्या वेळार तें फुकट दिवपाची येवजण आंखल्या. आदल्या काळांत जायत्या जाणांक पोलियो जातालो. पूण लसीकरण मोहिमेक लागून भारत आतां पोलियो मुक्त जाला. हे वासीनावीशी कसलोच गैरसमज करून घेनासतना वाशीन घेवप गरजेचें आसा, अशे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी सांगले.ह्यावेळार दोतोर केदार पडते, दोतोर वंदना धुमे गौरीश धोंड तशेंच शाळेचे विर्द्यार्थी तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

नगरगांवांतल्या श्रवण देवीदास बर्वे हाचो गळो दाबुन खुन केल्या प्रकरणात आंबेडे-नगरगाव राबीतो करपी 42 वर्सा पिरायेच्या वासुदेव ओझरीकाराक पुलिशेन अटक केल्या. अशी म्हायती उत्तर गोंय पुलिस अधिक्षक अक्षत कौशल हांणी दिल्या. ह्या प्रकरणांत तपास करपाखतीर काल वाळपय पुलिसांनी 18 जाणांक चवकशे खातीर ताब्यांत घेतिल्लें. उपरांत तातुंतल्या 15 जाणांक सोडले आनी तिगांक पर्वरे पुलीस स्टेशनाचेर चवकशी खातीर हाडील्ले, तातुल्यान दोगाक पुलिशेन सोडला जाल्यार वासुदेव ओझरीकारा हाका पुलिशेन अटक केल्या. पुलिस हे विंशी फुडलो तपास करता. जाल्यार दुसऱ्या एका प्रकरणात पेडण्या खाजने हांगा नेनट्या चलयेक मारपेट करपाच्या गुनयावाट समीर कोरगांवकार हांका पुलिशेन सिंधुदुर्गाच्या भेडशी वाठारात अटक केल्याची म्हायती पुलिस अधिक्षक अक्षत कौशल हांनी दिल्या.

नवी दिल्लींतल्या नामनेच्या ग्लोबल ह्यूमन रिसोर्स डेव्हलपमेंट सेंटर हे संस्थेन देशांतल्या कायदो म्हाविद्यालयांच्या केल्ल्या सर्वेक्षणांत मडगावच्या गोविंद रामनाथ कारे कायदा म्हाविद्यालयाक राज्यांतलें सगळ्यांत बरें कायदो म्हाविद्यालय म्हणून वेंचून काडलां. हाचे भायर अस्तंत भारताच्या वाठारांत ह्या म्हाविद्यालयान सातवें स्थान मेळ्ळां अशी माहिती विद्या विकास मंडळ ह्या शिक्षण संस्थेचे अध्यक्ष नितीन कुंकळयेकार हांणी दिली. ह्या सर्वेक्षणांत देशभरांतल्या कायदो शाळांचें मुळावी सादन सुविधा, शिक्षणीक उदरगत, संशोधन आनी प्रशिक्षण कार्यावळी, समाजीक क्षेत्रांत केल्लें काम, मेळिल्ले पुरस्कार, हेर

वेगवेगळ्या संघटनां कडेन केल्ल्यो कबलाती आनी आदल्या विद्यार्थ्यां वरवीं केल्ल्या प्रभावी कामाच्या निकशांचेर मूल्यमापन केल्लें.

विद्या विकास मंडळच्या खाला गोविंद रामनाथ कारे कायदो महाविद्यालय 1979 वर्सा स्थापन जाल्ली. दक्षिण गोंयांत कायद्याचें शिक्षण दिवपी हें एकमेव म्हाविद्यालय. म्हाविद्यालयान हालींच्या काळांत न्याय यात्रा सारकिल्ल्यो वेगवेगळ्यो अभिनव संकल्पना मांडल्यात, जाचे वरवीं म्हाविद्यालयांतल्यान वेगवेगळी कायदेशीर जागृताय आनी कार्यावळी हातांत घेतल्यात अशी म्हायती कुंकळयेकार हांणी दिली.

अस्तंत बंगालांतल्या सध्याचे परिस्थितीचेर नियंत्रण दवरपाक राज्य सरकार अपयशी थारला असो दावो करुन परिस्थितीचेर नियंत्रण दवरपाक सरकाराक अपेस आयिल्ल्यान राष्ट्रपती राजवट लागू करची. केंद्रीय सुरक्षा दळाची नेमणूक करून एन आय एन हिंसाचाराची चवकशी करची. बांगलादेशाचे शिमेचेर तारेंचें कुंपण घालचे अश्यो मागण्यो करपी एक निवेदन विश्व हिंदू परिशद आनी हेर संघटनांनी आयज दक्षिण गोंयची  जिल्होधिकारी एग्ना क्लिटस हांका भेटयले. ह्या वेळार विश्व हिंदू परिशदेचे गोंय राज्य अध्यक्ष मोहन आमशेकार तसेच श्याम नायक, आनंद आंगडी, राजेंद्र मळकर्णेकार, दिक्षत नायक, ठाकुर नायक हाजीर आशिल्ले. हे निवेदन राष्ट्रपती मेरेन पावोवपाचें आश्वासन जिल्हाधिकाऱ्यांनी दिलां अशी म्हायती आमशेकार हांणी दिली.

तापमान

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान**34** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान **27** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला**.**

राज्यात फुडले सात  दिस **34-36** डिग्री सेल्सिअस तापमान वाडू येता  आणि हवामानात व्हडलोसो बदल जावचो ना अशे वेधशाळेन कळीत केला

निस्वार्थ सेवा आनी मानवतावादी वावराची परंपरा पाळून उजो पालोवपी आनी आपत्कालीन सेवा संचालनालयान गोंय वैजकी म्हाविद्यालय, बांबोलीच्या रक्तपेढीच्या सहकार्यान आज सकाळीं 9:00 वरांचेर उजो पालोवपी दळ प्रशिक्षण केंद्रांत उजो पालोवपी दळाच्या सप्तकाच्या कार्यावळींचो एक भाग म्हूण रगतदान शिबिर आयोजीत केले. ह्या शिबिराचें उक्तावण उजो पालोवपी आनी आपत्कालीन सेवा संचालक नितीन व्ही रायकर हाणी उपसंचालक उपविभागीय अधिकारी उत्तर विभाग पणजी श्रीपाद गावस, विभागीय अधिकारी दक्षिण विभाग मडगाव फ्रान्सिस्को मेंडेस, सहाय्यक विभागीय अधिकारी उत्तर विभागीय अधिकारी उत्तर विभागीय पणजी बॉस्को फेराव आणि वैजकीय अधिकारी जीएमसी रक्तपेढीचे डॉ. संजय कोरगावकर, यांच्या उपस्थितीत केले.

जैव विविधताय, पर्यावरण आनी पर्यावरण संवर्धन ह्या मळार आदर्श योगदान दिवपा खातीर गोंय राज्य जैव विविधताय संवर्धन पुरस्कार 2024 खातीर गोंय राज्य जैव विविधताय संवर्धन पुरस्कार जाहीर केल्यात. अध्यक्ष जयेश वलावलकर हांच्या फुडारपणा खालच्या पिलगांवच्या जैवविविधताय वेवस्थापन समितीक, निवृत्त कृशी उपसंचालक विठ्ठल अनंत जोशी, निवृत्त सरकारी कर्मचारी आनी फळां उत्पादन शेतकार दत्ताराम गोपाळ सरदेसाय, म्होवा मूस सांभाळ करपी आनंद मेलेकर, पारंपारीक वैज, लीलावती उसगांवकार, रान वावराक नावो पावणो पर्यावरण मळार फादर. सिरियाक जेम्स, पशुकल्याण आनी टिकावू शेतीच्या मळार नगर आनी देश नियोजन खात्यांतले निवृत्त नियोजन सहाय्यक, कमलाकांत सावलो तारी, रानटी मशरूमांचें दस्तावेजीकरण करपी गोंय वैजकी म्हाविद्यालयांतले देवेश नायक, जहीर कर्मली आनी डोमिंगोस आर्काडियो फर्नांडीस आनी राजेंद्र वेलीप,. रॉय बारेटो, नेस्टर फर्नांडीस आनी पिओ प्रॅक्सेदेस ज्युलियो क्वाड्रोस हांकां जैवविविधताय संवर्धनाच्या मळार तांणी केल्ल्या योगदाना खातीर, ICAR-CCARI चे डो श्रीकांत जी.बी, जैव विविधताय संशोधन, सैमीक शेती, रान आनी संवर्धन उपक्रमांत दिल्ल्या योगदाना खातीर गोपीनाथ विष्णु गावास, मंगीरीश धारवाडकर आनी राहुल कुलकर्णी, म्हालगडो फोटो पत्रकार गणेश शंकर शेतकार हांकां गोंयांतल्या प्रभावी पर्यावरण पत्रकारिते खातीर, ग्रीन पत्रकार वर्गांत वहाब खान,

एस. आरती दास आनी. सुभाष म्हाले हांकां जैव विविधतायेचेर आनी हेर संबंदीत मळार अहवाल दिवपाचो, बरोवपाचो व्हड अणभव दिल्ल्या खातीर. तशेच उरबा वाडोवपी इनामा नितीन सावंत अंकिता देसाई प्रिया आल्मेदा, विनय तुबकी, नंदा माजिक उपयोग ब्रगंझा,  महेश वायंगणकर, अल्वितो डी’सिल्वा, नरेश शिगांवकार, योगीराज गोसावी, शितिजा नायक, .देविदास वेलिप हांका फाव जाला.

नमस्कार